NATIONAL BULLETIN 15-09-26

RNU PANAJI

मुकेश थळी तुमकां राष्ट्रीय खबरो दिता

संरक्षण दळां, संशोधन आनी विकास संस्था आनी उद्योग मळ हांच्यांतल्या अखंड सहकार्यातल्यानूच संरक्षण मळार आत्मनिर्भरता साध्य करूं येता अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी सांगलें. तंत्रज्ञानाचो स्वीकार नेटान करपा खातीर आनी भारताची संरक्षण उत्पादन परिसंस्था घटमूट करपा खातीर ताणी अधिक संवाद, सह-विकास आणि सह-उत्पादन हांचेर भर दिलो. नवी दिल्लीत आयोजित 'डीआरडीओ-उद्योग समन्वय बसका म्हणजेच 'विमर्श २०२६' हातूंत ते उलैताले. क्षेपणास्त्रे ते रडार, झुजारी विमानां ते पाणबुडयो आनी इलेक्ट्रॉनिक झूज प्रणाली ते (AI) अशा दरेका मळार डीआरडीओन आपली तांक दाखैल्या ताणी म्हळें.

फाटल्या कांय वरसांनी ज्यो सुदारणा जाल्यात त्यो अप्रूप आसात अशें संरक्षण मंत्र्यांनी सांगलें.

2

पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्री भूपेंद्र यादव हाणी भारताच्या शाश्वत विकास आराखड्यात 'वाटकुळसार अर्थव्यवस्थे'ची तत्वां आसपावीत करपाच्या लागणुकेचेर भर दिला.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला भारतान फेरवापर, दुरुस्ती आनी सांबाळ हेसारख्या आपल्या पुर्विल्ल्या सांस्कृतिक प्रथांक आधुनिक धोरणांत कशा आसपावीत करून

घेतलां, ताचेर मंत्र्यांनी विशेष भर दिला. गांधीनगरातल्या महात्मा मंदिरात आयोजित 'वर्ल्ड सर्क्युलर इकॉनॉमी फोरम' च्या १० व्या आवृत्तीच्या उद्घाटन सत्रात ते उलैताले.

'ब्रिक्स नवी दिल्ली घोषणापत्र', भारत-युरोपियन युनियन जोरड आराखडो आनी 'मिशन लाइफ' सारख्या संवसारीक सहकार्याचो उल्लेख मंत्र्यांनी केलो.

3

बँको २,००० रुपयां मेरेनच्या 'युनिफाइड पेमेंट्स इंटरफेस' (UPI) व्यवहारांचेर कसलेंच शुल्क आकारूंक शकना अशें सरकारान जाहीर केलां.

सरकारी राजपत्रांतले अधिसूचोवणे प्रमाण, 'रु-पे' डेबिट कार्डावरवीं 2000 रुपयां मेरेन च्या फारीकपणाचेर शुल्क आकारचेना. या माध्यमांतल्यान फारीक करपी वा स्वीकारपी व्यक्तीचेर खंयचीच बँक वा प्रणाली पुरवणदार कसलेंच प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्ष शुल्क लादूंक शकना.

UPI व्यवहारांतल्या शुल्का विशींचे नेम स्पश्ट करपा खातीर अर्थ मंत्रालयान 'पेमेंट अँड सेटलमेंट सिस्टम्स ॲक्ट'  खाला हे बदल अधिसूचित केल्यात.

4

लोकसभा सभापती ओम बिर्ला हाणी सांगलां की  लोकशाय ही देशाच्या सांस्कृतिक आनी सभ्यतेच्या मूळ गाभ्यांत खोलमेरेन रूजल्या. 'आंतरराष्ट्रीय लोकशाय दिसा' निमतान सोशल मीडियाचेर केल्ल्या एका पोस्टांत ताणी भारतीय लोकशायेचो गौरव केलो.

5

भारताची सार्वजनिक प्रसारण वाहिनी 'दूरदर्शन' आज आपला ६७ वा स्थापना दिस मनैता. १९५९ मध्ये 'ऑल इंडिया रेडिओ'च्या अंतर्गत एक प्रायोगिक दूरदर्शन सेवा म्हणून ह्या वाहिनीची सुरवात जाल्ली. फाटल्या कांय दशकांत माहितीचा प्रसार, सांस्कृतिक सामाळ आनी राष्ट्रीय एकात्मता साधपी एक महत्त्वाचें व्यासपीठ म्हणून तिचो विकास जाला.

6

स्वच्छ सागर सुरक्षीत सागर ही कार्यावळ 12 ते 19 सप्टेंबर मजगतीं जाता ताका लागून सागरांची राखण करपाचो सोपूत घेवया अशें मंत्री जितेंद्र सिंग हाणी म्हळां. दर्या वाठारांची राखण करप ही आमची लागणूक अशें ताणी म्हळें.

7

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी परा बीरेस्तारा नवी दिल्लीतल्या 'यशोभूमी'त 'सेमिकॉन इंडिया २०२६' च्या पाचव्या आवृत्तीचें उक्तावण करतले. या कार्यावळीत 600 परस चड प्रदर्शक, 300 आंतरराष्ट्रीय कंपन्यो आनी 40 परस चड देशांतलीं शिष्टमंडळां वांटेकार जातलीं. ह्या प्रदर्शनात स देशांचे मंडप आनी बारा राज्य सरकारांचीं दालनां, तशेंच 'स्टार्टअप पॅव्हेलियन'चो आसपाव आसतलो.